**राज्यांत सुरक्षीत आनी सुरळीत पर्यटन उद्देगाखातीर सरकाराचे प्रयत्न आसा- मुख्यमंत्री**

ता. 19 डिसेंबर 2022

राज्यांत पर्यटन उद्देगाच्या मळार कसल्याच प्रकारचो गैरवेव्हार खपोवन घेवचे नात. गैरवेव्हार करतल्यांचेर कडक कारवाय जातली. राज्यांत पर्यटन वेवसाय सुरक्षीत आनी सुरळीत पणान चलपाखातीर सरकार सगलें तरेचे उपाय करतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज ताळगांव पठाराचेर गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो उपरांत उलयतना सांगलें.

पर्यटन वेवसायाच्या मळार पोशक वातावरण निर्माण करपाक आनी आवश्यक साधनसुविधांचो विकास करपा खातीर संबंदीत वेवसायिकांनी योगदान दिवपाची गरज आसा. पर्यटकांक आकर्शीत करपा खातीर आवश्यक साधनसुविधांचो विकास म्हत्वाचो आसून पर्यटन वेवसायावरवीं राज्याच्या अर्थवेवस्थेत वाड करप शक्य आसा, अशें तांणी सांगलें.

राज्यांतलो खण उद्देग परतून सुरू करपा खातीर सरकाराचे नेटान यत्न चालू आसात. तशेंच शिक्षण, साधनसुविधा आनी हेर मळार विकास करून लोकांच्या जीणेचो दर्जो सुदारपाखातीर सरकार कटीबद्द आसा. सरकार स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमावरवीं लोकांक आपरोजगार तशेंच वेवसाय सुरू करपाक प्रोत्साहन दिसा. राज्यांत कृशी वेवसायाक प्रोत्साहन दिवपाचोय वावर चालू आसा. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण चालीक लावन शिक्षणाचो दर्जो वाडोवपाक खातीर सरकाराचे प्रयत्न चालू आसात, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

पोर्तुगीज राजवटीतल्यान गोंयांक मुक्त करपा खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आनी हुतात्म्यांक नमन करून मुख्यमंत्र्यान गोंय मुक्ती चळवळीचो इतिहास सांबाळून दवरपाखातीर आनी तो सामान्य लोकांमेरेन पावोवपाखातीर सरकाराचे प्रयत्न आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान पिंटो, राणे आनी कुंकळ्ळी बंडाच्या म्हायतीचेर प्रकाशीत केल्ल्या पुस्तीकेचे विमोचन केले. तशेंच उत्कृश्ट सेवेखातीर पुलीस अधिक्षक किरण पोडवाल हांका राष्ट्रपती पुलीस पदक, पुलीस अधिक्षक अभिषेक धानिया, उपअधिक्षक मनोज म्हार्दोळकर, तुशार वेर्णेकर, पुलिस उपनिरिक्षक देऊ माणगांवकर, पुलीस कॉन्स्टेबल संतोष भाटकर, श्रीमती छाया गडकर, अविनाश नाईक हांका मुख्यमंत्री पदक भेटयले. तशेंच विठ्ठल माजीक, रॉक इस्तिबेरो, हसन पटेल, अमित नाईक हांका केंद्रीय गृहमंत्री पदक भेटयले.

मुख्यमंत्र्यान उजो पालोवपी दळाचे अधिकारी रविंद्रनाथ पेडणेकर, रूई फर्नांडिस, देवानंद पार्सेकर, धर्मेंद्र नाईक हांका तशेंच गृहरक्षक अनिल हळदणकर, श्रीमती रिता राजू, श्रीमती सुनंदा चोपडेकर हांकाय मुख्यमंत्री पदक भेटयले.

श्री. रजत प्रभू, श्री. राजेंद्र देसाय, गास्पार फर्नांडिस, संजय राणे हांका कृशी मळावयल्या योगदानाखातीर कृशी रत्न आनी कृशी विभूषण पुरस्कार भेटयले. अन्न सुरक्षेच्या मळार उत्कृश्ट कार्याखातीर अन्न आनी वखदां खात्याच्यो संचालक श्रीमती ज्योती सरदेसाय हांका पुरस्कार भेटयलो.

सुवाळ्याक गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर, महसूलमंत्री श्री. आतानासियो मोन्सेरात, विरोधी पक्ष फुडारी श्री. युरी आलेमांव, एडव्होकेट जनरल श्री. देवीदास पांगम, मुख्य सचीव श्री. पुनित कुमार गोयल, ईडीसीचे अध्यक्ष श्री. सदानंद तानावडे, सरकारी सचीव, अधिकारी, विद्याथ्यी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/799

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji